आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

प्रादेशिक खबरा विभागावरवी

Date:05/01/2026 6.30 PM

60
प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयतारा गुजरातांतल्या सोमनाथ देवळाक भेट दितले. सोमनाथ स्वाभिमान पर्व निमतान वर्सभर वेगवेगळ्या कार्यावळीचे आयोजन केला . सोमनाथ देवळाचेर जाले पयल्या हल्ल्याक 1हजार वर्सां जातात ते निमतान 8 ते 11 जानेवारी मेरेन जायत्यो आध्यात्मिक आनी समाजीक कार्यावळी घडोवन हाडटले.
फाटल्या हजारानी वर्सां सावन सोमनाथ देवळाचें अस्तित्वहे देशांतल्या अदम्य संस्कृतीक भावनाचें प्रतीक आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां.bytes

40
ऑपरेशन सिंदूर वेळार नॅशनल कॅडेट कोर्प (एनसीसी) हांणी तोखणायेची भुमिका साकारली अशें उपराष्ट्रपती सी.पी. राधाकृष्णन हांणी म्हणला
ताणी आयज नवी दिल्लींत प्रजासत्ताक दिसा जाव्पी एनसीसी परेड कॅम्पक मार्गदर्शन केलें.bytes
राष्ट्र निर्मिती आनी समाजीक जापसालदारकेच्या मळार एनसीसी कॅडेट मुखार आतले असो विस्वास ताणी उक्तायला.

120/80
संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हाणी आयज गोंयात प्रदूषण नियंत्रण जहाज समुद्र प्रतापचे उक्तावण केले.
Bytes
देशाच्या सामुहीक संकल्पाचें आनी दर्यावेल्या आत्मविस्वासाचें प्रतीक म्हणून ह्या तारवाची संरक्षण मंत्यानी तोखणाय केली. bytes
४,२०० टन वजनाच्या ह्या जहाजाचो वेग ताशी २२ नॉट्सपरस चड आसा आनी ते एका वेळार ६,००० नॉटिकल मैल प्रवास करूंक शकता.. समुद्र प्रतापच्या आस्पावान भारतीय तटरक्षक दलाची कार्यक्षमता वाडटली आनी दर्या सुरक्षा, पर्यावरण संरक्षण आनी देशांतर्गत संरक्षण उत्पादनाक चालना मेळटली .
७०

मनरेगा येवजणेंत पारदर्शकता हाडपा खातीर "विकसीत भारत जी राम जी" कायदो हाडला अशें कृशी मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी म्हणला. हे येवजणे खाला लावार्थ्यां खातीर रोजगार काळ शंबर दिसां वयल्यान 125 दिसां मेरेन वाडयला आनी लावार्थ्यांक वेळार पयशे मेळटले अशें तांणी तमिळनाडूच्या इरोडांत शेतकारांक मार्गदर्शन करतना सांगलें. शेतकारांक फायदो चालूच उरचो म्हणून ग्रामीण मुळावी बांदावळ घटमूट करतले आनी रोजगारा उपरांत 15 दिसां भितर लावार्थ्यांक पयशे मेळनात जाल्यार कायदेशीर कारवाय करतले अशें ताणी मुखार सांगलें.
७०
फाटल्या 11 वर्सांत भारतांत इलॅक्ट्रॉनिक्स उत्पादनांत स पटींनी वाड जाल्यार निर्गतांत आठ पटींनी वाड जाल्या अशे म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सोशल मिडियापोस्टात म्हणला .फाटल्या

वर्सा फकत एपल कापनीन 5 हजार कोटी मोलाचे मोबायल फोन निर्गत केल्यात. देशांत अंदूं 4 नवे इलेक्ट्रॉनिक्स कारखाने स्थापन करतले. सध्या ह्या क्षेत्रांत 25 लाख नोकऱ्यो मेळटात आनी कांय कंपनींनी एकाच कारखान्यांत 40 हजार मेरेन नोकऱ्यो दिवपाची तांक आसा अशें तांणी मुखार सांगलें.

हवामान ३५

भारतिय हवामान खात्यान भारतीय हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन दिल्ली, चंडीगढ, उदेंत उत्तर प्रदेश, हरियाणा, मध्यप्रदेश, ओडिशा आनी पंजाब वाठारांचेर सामके दाट धुकें पडपाची शिटकावणी दिल्या. .मजगतीं, दिल्ली-एनसीआर वाठारात हवेचो दर्जो सामको वाईट श्रेणीत आसा.

स्पोर्ट्स 60

खेळो इंडिया बीच गेम्सची दुसरी आवृत्ती  आयज सावन दीवच्या घोगला बीचाचेर सुरू जाल्या. हतुत 2,हजार 100 वयर खेळगडे आठ वेगवेगळया खेळांनी वांटो घेतले. भारतीय खेळां प्राधिकरण आनी राष्ट्रीय खेळां संघटणांच्या आदारान आयोजित हे खेळ  10 जानेवारी मेरेन चलतले. खेळांक चालना दिवपाच्या प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या दृश्टीकोना प्रमाण खेळो इंडिया बीच गेम्स आसात अशें युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्री डॉ. मनसुख मांडवीय हाणी म्हणाले.

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर  -